TABSME AOF FOR ONI

# अटी आनी नेम

**इलॅक्ट्रोनीक फॉर्म भरप:** हांव/आमी हांगासर टॅब्लेट आनी मोबायल वापरून ऍक्सिस बँकेंत खातें उगडपा खातीर पुष्टी करता/तात आनी ____________, कर्मचारी/प्रतिनिधी आयडी _____________ आशिल्ल्या ऍक्सिस बँक लिमिटेडच्या एका कर्मचाऱ्याक/प्रतिनिधीक म्हज्या/आमचे वतीन आनी इलॅक्ट्रॉनीक अर्जांत हांवें दिल्ले सुचोवण्यां प्रमाणें खातें उगडपाचो तपशील दाखल करपाक अधिकृत करतात. ताणें/तिणें इलॅक्ट्रॉनीक अर्जांत घाल्लो तपशील हांवें/आमी नियाळला आनी तपासला आनी तो खरो, योग्य आनी अपडेट आसा हाची खात्री केल्या आनी इलॅक्ट्रॉनीक अर्ज फॉर्माच्या संदर्भांत वयर सांगिल्लो संदर्भ क्रमांक म्हज्या नियाळणी, अर्जाच्या तपशीलांचें सत्यापन आनी पुष्टी उपरांत तयार केला. इलॅक्ट्रोनीक अर्जाचें फॉर्म आनी कागदपत्री ऍप्लिकेशन फॉर्म एकठांय वयर उल्लेख केल्ल्या अर्ज क्रमांका खातीर खातें उगडपाचे दस्तावेज थारतले.

हांवें/आमी (ह्या संदर्भांत, "हांव/आमी", "म्हजें/आमचें" आनी "म्हगेलें/आमगेलें" म्हणल्यार खात्याच्या सगळ्या धारकांक) सकयल दिल्ले नेमआनी अटी वाचल्यात आनी समजल्यात आनी एटीआनीनेमांनी खंयचेय बदल जाले जाल्यार ते फकत www.axisbank.com ह्या वॅबसायटीचेर उपलब्ध जातले हें हांव/आमी जाणात.

**खातें उगडप/सेवा तरतूद:** खातें उगडपा सयत सगळ्यो सेवा हांवें दिल्ल्या म्हायतीच्या/ दस्तावेजांच्या सत्यापनाचेर आदारीत आसात. हें खातें उगडनाशिल्ल्या घडणुकेंत, जर हांवें/आमी सुरवेक खात्याक `20,000 वा चड पयशे रोख निधी दिला जाल्यार, तें म्हाका फकत डीडी/चॅक वा पीओच्या रुपांत परत करतले. पाकिस्तानांतल्यान आयिल्ल्या घटकाक आपल्या प्रकल्प कार्यालय खात्या खातीर खातें उगडपा खातीर आरबीआयची मान्यताय घेवची पडटली.

**अस्तित्वांतलो गिरायक आयडी**: अस्तित्वांतलीं गिरायकां जीं तांचो गिरायक आयडी जाहीर करिनात आनी नवे गिरायक म्हूण अर्ज करतात, अशा वेळार बँकेक, म्हज्या/आमच्या कसलेच पूर्वसंमतीशिवाय तांच्या निर्णयाप्रमाणें गिरायकाचो आयडी एकत्रीत करपाचो अधिकार आसा.

**सेवा:** ऍक्सिस बँके कडल्यान सगळ्यो सेवा सगळ्यांत बऱ्या यत्नाच्या आदाराचेर दितले. म्हाका मेळपी सेवांची पुराय वळेरी www.axisbank.com ह्या वॅबसायटीचेर मेळटली

**फी आनी शुल्कां:** म्हजें खातें आनी म्हाका मेळपी हेर सेवांचेर, शुल्कांचें नियोजन हातूंत आनी www.axisbank.com ह्या वॅबसायटीचेर वर्णन केल्ले प्रमाणें फी आनी शुल्कां लागतलीं. वेळच्या वेळार लागपी उत्पादनां आनी सेवा कर आनी हेर वैध लागणूको सगल्या फीयांनीं घालतले.

**फी आनी शुल्कां आनी सेवांनी बदल:** फी आनी शुल्कां, सेवा वा कळंतर दरांनी किदें बदल जाले/रद्द केले जाल्यार पत्र/एसएमएस/वॅबसायट/ईमेल वा हेर माध्यमा वरवीं किमान 30 दिसां भितर म्हाका ते विशीं कळयतले.

**वसुली:** फी/शुल्कां फारीक करूंक खात्यांत निधी उपलब्ध नासल्यार, हांव ऍक्सिस बँकेक वसुली उत्पन्नांतल्यान वा खंयच्याय ठेवींतल्यान खात्यांत दुडू जमा करपासयत खंयचेंय उपलब्ध क्रेडिट लावपाचो अधिकार दिता.

**खातें गोठेवप:** आमी ऍक्सिस बँकेक फुडल्या परिस्थितींत, हेर तरेन सांगिल्लें सोडल्यार म्हाका सुचोवणी दिवन म्हजें खातें गोठेवपाचो अधिकार दिता**त.** अ. जर बँकेक दुबाव आसा की म्हज्या खात्यांतल्या सगळ्या रोख, धनादेश, डीडी आनी हेर ठेवी / वेव्हारा वरवीं एनईएफटी, आरटीजीएस आदी वरवीं संबंदीत ठेवी वेळावेळार लागू

आशिल्ल्या कायद्या आनी नेमांक पाळो दिना वा ताचें उल्लंघन करतात, अश्या वेळार बँक खातें गोठवंक शकता आनी अशा ठेवी/वेव्हारा खातीर आमी जापसालदार/जबाबदार आसतले. ब. म्हज्या खात्यातल्या पयशांचो मनी म्यूल वा अनधिकृत पयशे एकठांय करपा खातीर चॅनल म्हणून वा खंयच्याय बेकायदेशीर कार्यावळी खातीर वाहिनी म्हणून गैरवापर जाता असो दुबाव आसल्यार. (ह्या प्रकरणांत म्हाका नोटीस मेळची ना)

**खातें बंद करप:** हांव फुडल्या प्रकरणांत बँकेक म्हाका पूर्व कळोवणी धाडून म्हजें खातें बंद करपाचो अधिकार दिता अ. 3 म्हयने वा चड काळाखातीर म्हज्या खात्यांत शिल्लक शून्य आसल्यार; ब. म्हज्या खात्यांतल्यान फारीकसाणी व्हडा प्रमाणांत डिसऑनर जातात; क. खंयचेंय न्यायालय/कायदेशीर संस्था/नियामक प्राधिकरणान वेळच्या वेळार जारी केल्ल्या/निर्देश दिल्ल्या खंयचोय आदेश, सुचोवण्यो, मार्गदर्शनां, मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण बँक निर्णय घेवंक शकता असो हेर प्रसंग.

**वेव्हार:** खात्या संबंदी ॲक्सिस बँकेक खंयचीय सुचोवणी, दोनूय अर्थीक/बिगर अर्थीक स्वरुपाची (देखीक: चॅक बुक/कार्ड जारी करप, अर्थीक वेव्हार, वैयक्तीक तपशील अपडेट करप आदी) म्हजे कडल्यान फकत अधिकृत चॅनलांतल्यान जी बँक स्पश्ट करतली, त्या वेळार प्रचलित आशिल्ल्या नियामक मार्गदर्शक तत्वांचेर आदारून आसतली. अधिकृत चॅनलांतल्यान येवंक नाशिल्ल्या सुचोवण्यांचेर ॲक्सिस बँकेन कृती करप अपेक्षीत आसचें ना, पूण असामान्य परिस्थितींत तत्सम सुविधा पुरवण करूंक आपले निर्णयाप्रमाणें कृती करपाचो अधिकार बाळगिता.

**चॅनल सुविधा:** चॅनल सेवा सुविधा जाय आशिल्ल्या अधिकृत नाशिल्ल्या स्वाक्षरी करप्यान चॅनल नोंदणी फॉर्म भरचो पडटलो आनी तेंको आसपी दस्तावेजां सयत सादर करचो पडटलो.

**चॅक बूक:** वित्तीय वर्साच्या काळांत चार प्रसंगांचेर फावो तो निधी नाशिल्ल्यान वा फावो त्या निधीच्या उणावाक लागून 1 कोटी आनी ताचे परस वयर चॅक परत केल्यार वा एका तिमाहीत 8 चॅक वा ताचे परस सकयल्या रकमेचे चॅक परत केल्यार ताजें चॅक बुक जारी करचें ना.

**डॅबिट कार्ड:** ॲक्सिस बँकेन पुरवण केल्ल्यो सगल्यो सुविधा विशिश्ट मार्गदर्शक तत्वांच्या अधीन आसतल्यो जाची म्हायती www.axisbank.com वॅबसायटीचेर दिल्ली आसा. हांवें पासवर्ड, पिन्स, वा आयडी/किंवाय कडेन कनॅक्ट आसपी टीएफ सारकी संवेदनशील म्हायती पुरवण केली आनी फटोवणूक जाली जाल्यार ते खातीर ॲक्सिस बँक जापसालदार आसची ना.

**डीजी येवकार किट:** अटी आनी नेम तशेंच हेर पत्रकां जशीं वचनबद्धताय संहिता, डेबिट कार्ड एमआयटीसी आनी चालू खातें बंडलिंग पत्रक एकदां खातें उगडल्या उपरांत एसएमएस आनी ईमेल वरवीं धाडटले.